# स्वच्छता ही सेवा मोहिमेचो समारोप

ता. 3  ऑक्टोबर 2024

निरोगी जीणेखातीर पर्यावरण नितळ आसपाची गरज आसा. तशेंच गोंय हे पर्यटन थळ आशिल्ल्यान पर्यटकांक आकर्शीत करपा खातीर सरबराय आनी सुविधां सयत नितळसाण म्हत्वाची आसा, अशें, पंचायत मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो हांणी सांगलें. श्री. गुदिन्हो आयज खोर्ली म्हापशेंच्या सारस्वत एज्युकेशन संस्थेच्या श्रीधर काकुलो वाणिज्य आनी वेवस्थापन महाविद्यालयांत आयोजीत स्वच्छता ही सेवा मोहिमेच्या समारोप कार्यक्रमात उलयताले.

गोंयांत कोयर वेवस्थापन आनी प्रक्रिया करपाची सुविधा आशिल्ल्यान गोंय कोयर मुक्त जावप शक्य आसा, पुण त्या खातीर नागरीकां सयत थळाव्या संस्थांनी प्रयत्न करपाक जाय, अशें सांगून तांणी चिकली आनी बोगमाळो गांव नितळ आनी हरीत करपा खातीर केल्ल्या प्रयत्नांची म्हायती दिली.

श्री. गुदिन्हो हांणी ग्रामपंचायत वाठारांतल्या कोयराचे योग्य तरेन वेवस्थापन करपा खातीर गट विकास अधिकाऱ्यांनी पंचायत प्रशासनाक सहकार्य करपाचो उलो मारलो.

गोंय विधानसभेचे उपसभापती आनी म्हापशेंचे आमदार श्री. जोशुआ डिसौझा हांणी आपल्या भाशणात लोकांनी आपलो वाठार नितळ आनी कोयर मुक्त दवरपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार स्वच्छ भारत-नितळ गोंय विशयाचेर चर्चासत्र जाले. ह्या कार्यक्रमात उत्कृश्ट नितळसाण कामगांर, उत्कृश्ट पंचायत तशेंच गट विकास अधिकाऱ्यांचो सत्कार जालो.

म्हापशें नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष डॉ. नुतन डिचोलकर, पंचायत उपसंचालक श्री. कृष्णकांत पांगम आनी हेर अधिकारी कार्यक्रमाक हाजीर आशिल्लें.

सुरवातीक पंचायत उपसंचालक श्री. प्रसिध्द नाईक हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो, जाल्यार उपसंचालक फियोना कार्दोज हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/    / विगां/ 2024/545

--

---------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.